**स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक नोकरी दिवपाची येवजण**
**नोकरे खातीर नोंदणी करपाक निमाणी संद**

ता. 16 मार्च 2026

गृह खात्यान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक सरकारी नोकरी दिवपाच्या येवजणे खाला नोकरे खातीर नोंदणी करपाक निमाणी संद जाहिर केल्या. गृह खात्यान 2013 वर्सा स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक सरकारी नोकरी दिवपाची येवजण अधिसुचीत केल्ली. ह्या येवजणे खाला नोंदणी केल्ल्या स्वांतत्र्य सैनिकांच्या पात्र भुरग्यांग विविध सरकारी खात्यांनी नोकरी दिल्या.

पुण अशें नदरेक आयला की कांय स्वांतत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांनी विविध कारणांक लागून ह्या येवजणे खाला नोंदणी केल्ली ना. ते खातीर गृह खात्यान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या भुरग्यांक ह्या येवजणे खाला नोंदणी करपाक निमाणी संद दिवपाचो निर्णय घेतला. स्वातंत्र्य सैनिकांच्या अशां सगळ्यां भुरग्यांनी ह्या येवजणे खाला नोंदणी करपाचो अर्ज मेळोवपा खातीर बापायच्या वा आवयच्या स्वांतत्र्य सैनिक दाखल्या सयत 17 ते 31 मार्च 2026 मेरेन गृह खाते, सचिवालय पर्वरी हांगा संपर्क करचो. मुजती उपरांत आयिल्ले अर्ज स्विकारचे नात आनी ह्या येवजणे खाला नोंदणी करपाक ही निमाणी संद आसतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/179

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.